Akashwani panaji regional news 7.25 am 13th September 2026

CM AGRI

'गोंय राज्य अमृत काळ कृशी धोरण, २०२५' अंतर्गत गोंयांतल्या पयल्या पांच शेतकारांक मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी 'ॲग्रीस्टॅक फार्मर आयडी' प्रमाणपत्रां प्रदान केलीं. शेतकारांक ही प्रमाणपत्रां भेटयतनां खुब खोस जाल्ल्याचें मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी सोशल मिडिया पोस्टा वरवीं म्हळां. आमच्या शेतकारांक  डिजिटल नदरेन सक्षम करपाचे दिकेन घातिल्ले हें महत्वाचें पावल आशिल्ल्याचें मुखेलमंत्री डॉ सावंत हांणी सांगलां. सोपे रितीन पडताळणी   तशेंच  बरे तरेन सेवां उपलब्ध जावचे आनी शेतकी पर्यावरण प्रणाले खातीर हें तंत्रगिज्ञान आपणावचें असो उलो मुखेलमंत्र्यांनीं मारला. गोंयभरांतल्या सगळ्या शेतकारांनीं   आपलीं एग्रीस्टॅक नोंदणी पुराय करची अशें मुखेलमंत्र्यांनी म्हळां. गोंयच्या शेतकारांक कृशी कार्ड एक म्हत्वाची वळख थारता. ताका लागून राज्य शेतकी खात्याचे फायदे मेळटात.एग्रीस्टॅक शेतकार आयडी ही एक वेगळी डिजिटल वळख आसा, जी शेतकारांक तांच्या जमनी कडेन आनी शेतकी म्हायती कडेन जोडटा आनी सरकारी येवजण्यो आनी सेवांच्या व्यापक श्रेणींत प्रवेश मेळोवन सुविधा दिता.

सीएम

मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं, चिखलीत 'महिला संसाधन केंद्र' आनी 'महिला भवन' - Weaves of Goan Natives हांचे उक्तावण जालें. तशेंच कुशळताय केंद्राची आभासिपणन बुन्याद घाली आनी "मॉव्ह" (Mauve) ब्रॅंडाचें उक्तावण आनी 'कॉफी टेबल बुकाचें प्रकाशन तांचे हस्तुकीं जालें. हो उपक्रम गोंयातलो हातमाग, कुणबी वस्त्रकला आनी पारंपरिक हस्तकलांक प्रोत्साहन दितलो तशेंच 'व्होकल फॉर लोकल' आनी 'स्वयंपूर्ण गोवा' अंतर्गत बायलांक कुशळताय, उद्योजिकता आनी उपजीविकेच्यो

संधी उपलब्ध करून दितलो अशें मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी म्हळां. नारीशक्तीचे सक्षमीकरण, गोंयचे दायज जपपाक आनी स्वयंपूर्ण गोंय घडोवपाक हाचो हातभार लागतलो अशें तांणी सांगलें.

कोंकण रेल्वे

चवथी वेळार प्रवाशांचो प्रवास सुटसुटीत करपक सुविधा उपलब्ध जावची हे खातीर कोंकण रेल्वेन सुलभ वेवस्था केल्या. प्रवाशांची गर्दी लक्षांत घेवन, कोंकण रेल्वे, मध्य रेल्वे आनी पश्चिम रेल्वेच्या समन्वयान खासा रेल्वे धांवतल्यो. ह्या खासा रेल्वे उधना जंक्शन, विश्वामित्री, वलसाड, वडोदरा जंक्शन, नागपूर जंक्शन, मुंबय सेंट्रल, मुंबई सी.एस.एम.टी, लोकमान्य टिळक टर्मिनस, वांद्रे टर्मिनस, दिवा, पनवेल आनी चिपळूण, रत्नागिरी, कुडाळ, सावंतवाडी मार्ग, मडगाव जंक्शन आनी ठोकुर ह्या स्थानकां मजगतीं धांवतल्यो.

**राष्ट्रीय सीव्हीडी शिखर परिषद**

भलायकी सेवा संचालनालयान ट्रायकोग हेल्थाच्या जोडपालवान २५ ते २७ सप्टेंबर २०२६ मेरेन गोयांत राष्ट्रीय हृदयविकार रोग शिखर परिषद २०२६ चें आयोजन केलां. काळजाच्या दुयेंसाचेर लक्ष केंद्रित करपी ही शिखर परिशद, भारतातली काळजाच्या दुयेंसाची सेवा घटमुट करपाचेर चर्चा करपा खातीर देशभरांतली भलायकी सेवा वेवसायिक, काळजारोगतज्ञ, क्लिनिशियन, धोरणकर्ते आनी हेर मुखेल हितधारकांक एकठांय हाडटली.भलायकी मंत्री विश्वजित राणे ह्या परिषदेचे उक्तावण करतले. उपरांत काळीज आनी रक्त वाहिन्यांसंबंधीत भलायकी सेवेक फुडें व्हरपाचेर लक्ष केंद्रित करपी विज्ञानिक चर्चा, तज्ज्ञ सत्रां आनी संवादांक सुरवात जातली.

**कुत्र्यांचे सर्वेक्षण**

सर्वोच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण गोंय राज्यांतल्या शारी आनी ग्रामीण थळाव्या स्वराज्य संस्थांवतीन १ ते १५ ऑक्टोबर २०२६ ह्या काळांत गोंय राज्यांतले रस्त्यार भोंवपी सुणें आनी पोशीलले सुणें तशेंच रस्त्यां कुशीक मेळपी भोंवपी जनावरांची क्षेत्रीय म्हायती एकठांय करपाक सर्वेक्षण मोहीमेचे आयोजन केल्ल्याची म्हायती गोरवां सांबाळ आनी गोरवां चिकित्सा सेवा संचलनालयान दिल्या.

Weather

गोय वेधशाळेच्या म्हणण्या प्रमाण पंजेत चदांत चढ तापमान ३३अंश celcius नोंद जाला जाल्यार उण्यात उणे तापमान 26 अंश celcius नोंद जाला.

Sports

गोय विद्यापीठान आयोजित केल्ले आंतर महाविद्यालयीन कबड्डी सर्तींत कानकोंच्या श्री मल्लिकार्जुन आनी श्री चेतन मंजू देसाई कला आनी वाणिज्य महाविद्यालय आनी फर्मागुडी -फोंडेंच्या gvm 'sच्या गोपाळ गोविंद पै रायतूरकर वाणिज्य आणि अर्थशास्त्र महाविद्यालय हाणी वळेरेन दादल्यांच्या आणि बायलांच्या गटांत वस्तादपण मेळयलें .Ani itlyan hyo pradeshik khabro soplyo mukhavele pradeshik khabrapatr tumka ayj sanje 7 vra 20 minitani aykunk meltale namaskar